**सरदार पटेल राष्ट्रीय एकता पुरस्कार- 2024 खातीर अर्ज मागयल्यात**

ता. 22 जुलय 2024

भारत सरकारच्या गृह वेव्हार मंत्रालयान सरदार पटेल राष्ट्रीय एकता पुरस्कार- 2024 खातीर अर्ज मागयल्यात. मजबूत आनी एकवटीत भारताची मुल्यां परत अंमलात हाडपाक राष्ट्रीय एकता आनी अखंडता वाडिक लावपा खातीर उल्लेखनीय आनी प्रेरणादायी योगदान दिवपी भारताचो नागरीक वा संस्था वा संघटना ह्या पुरस्काराखातीर पात्र आसा.

पात्र नागरीक वा संस्था वा संघटनांनी आपले अर्ज/शिफारसी फकत गृह मंत्रालयान डिजाईन केल्ल्या पासवर्ड सुरक्षीत केंद्रीयकृत (URLLhttps://awards.gov.in). ह्या ऑनलाईन पोर्टलावयल्यान धाडच्यो. पात्र नागरीक वा संस्था वा संघटनांनी पोर्टलाचेर उपलब्ध आशिल्ल्या अर्ज नमुन्यातल्यान राष्ट्रीय एकता आनी अखंडतायेच्या वाडिखातीर केल्ल्या विशेश कार्याची आनी सेवेची सविस्तर म्हायती दिवपाक जाय. अदीक म्हायती पोर्टलाचेर उपलब्ध आसा.

सरदार पटेल राष्ट्रीय एकता पुरस्कार- 2024 खातीर वयल्या पोर्टलावयल्यान ऑनलाईन नामांकनां धाडपाची निमाणी तारीख 31 जुलय 2024 आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/325

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.